Panaji Regional 11th February 2026 7.25am

बिल 150

वीज बिल मेळ्ळ्या उपरांत पंदरा दिसां भितर गिरायकांक ते फारीक करचें पडटलें. नाजाल्यार फकत सात दिसांची नोटीस दिवन वीज कापतले अशी शिटकावणी खात्याचे मंत्री सुदीन ढवळीकारान दिल्या. हो सरकारी नियम अस्तित्वांत आसा,आतां फकत ताची प्रभावीपणान अंमलबजावणी जातली अशे ढवळीकार हाणी सांगले. पयलीं बिल भरूंक ना जाल्यार उशीराची फी लायताले आतां तें लावचे बदला सात दिसांची नोटीस दिवन फुडलें बिल येवचे पयलीं थेट वीज कापुन उडयतले. गोंयांत वीज निर्माण जायना, देखून भायल्यान खरेदी करची पडटा. वीज खरेदी करपाक आमकां फकत तीन चार दीस मेळटात, देखून वीज गिरायकां कडल्यान मेळपी येणावळ बिलाच्या रुपांतय आमकां वेळार मेळपाक जाय अशे तांणी मुखार म्हळें. इतलीं खर पावलां उबारले बगर येणावळ येवची ना. आतां गिरायकां खातीर बिलां ऑनलायन फारीक करपाची सुविधा आसा. क्यूआर कोड, बँके वरवीं बिलां फारीक करूं येतात. थेट वीज बंद जायसर लोकांनी वाट पळोवची न्हय. नोटीस मेळ्ळ्या उपरांत लेगीत तांणी बिलां फारीक करचीं. एकदां जोडणी कापुन उडयल्या उपरांत ती परतून जोडपा खातीर दुप्पट पैशे फारीक करचें पडटलें.

Sewerage 60

सांड उदक म्हामंडळाचे अध्यक्ष sankalp amonkar हांणी काल कुंबरजुआ मतदारसंघांतल्या खोरले गांवांतल्या पीडीए colonyक भेट दिली. अमोणकारा वांगडा थळावे आमदार राजेश फळदेसाय आनी पीडीए कॉलोनीचे थळावे लोक हाजिर आशिल्ले.पीडीए कॉलोनीच्या 200 वयर घरां खातीर सांड उदक सुदधिकरण करपी प्लांट म्हणलयार stp प्लांट स्थापन करपाच्या संदर्भांत ही तपासणी आशिल्ली. तपासणी वेळार उलयतना अध्यक्ष आनी आमदार amonkar हांणी सांगलें की ताचें खातें बेगीनांत बेगीन काम सुरू करपाचो यत्न करता.

Rashmi carnival 90

गोयांत अंदु कार्निवाल 13 ते 17 फेब्रुवारी मेरेन मनयतले, तातूंत गोंयचे संस्कृतायेचेर भर दिवपी floats परेड जातली. 13 फेब्रुवारीक परवरी कार्निवलचो curtain raiser जातलो., उपरांत 14 फेब्रुवारीक पणजे, 15 फेब्रुवारीक मडगांव, 16 फेब्रुवारीक वास्को कार्नवलाची परेड जातली आनी 17 फेब्रुवारीक म्हापसा आनी मोरजे कार्नावलाचो निमाणो दीस आसतलो. कार्नावल महोत्सवाच्या आयोजना खातीर अंदु एक पूज्य त्रेपपन कोटी रूपया पर्यटन खाते खर्च करतले. जाल्यार अंदुचो कींग मोमो म्हण सेड्रीक डीकोस्टाची निवड जाल्या अशि म्हायती गोय पर्यटन खात्याचे वेवस्थापकीय संचालक कुलदीप आरोलकार हांणी पणजे पर्यटन भवनात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदे वेळार दीली .Byte - kuldeep arolkar

गणेश 50

गोंय शालान्त मंडळाच्या बारावीच्या परीक्षेक काल मंगळार सावन सुरवात जाली. कला, वाणीज्य आनी विज्ञान शाखे खातीर काल पयलो पेपर जालो. आयज बुदवारा वेवसायिक शाखेचो पयलो पेपर जातलो. हे परीक्षेखातीर 17 हजार byayshi विद्यार्थ्यांची नोंद जाल्या. कला, वाणीज्य आनी विज्ञान शाखेचो निमणो पेपर 23 फेब्रुवारीक जातलो. हाचे उपरांत तांत्रीक विशयांचे पेपर आसतले.

Dip strike govt 35

गोंय सरकारान गोंय अत्यावश्यक सेवा देखरेख कायदो, एकोनिषेआठयायशी खाला आनी भौशीक हिताखातीर गोंय राज्यांत जमीन वा उदका मार्गान प्रवासी वा म्हाल येरादारी करपी सगळ्या तरेच्या येरादारी सेवांक कसल्याय स्वरूपात संप करपाक तात्काळ बंदी लागू केल्या.

Weather - 80

पणजेत काल सेल्सियस चडांत चड तापमान 32.2 अंश जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 21 अंश इतले नोंद जाला तर मुरगांवां चडांत चड तापमान 32 अंश celcius जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 20.8 अंश सेल्सियस नोंद जाला. पुडले स दीस गोंयांतलें चडांत चड तापमान 34 ते 35 अंश सेल्सियस मेरेन आसपाची

शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.16 फेब्रुवारी मेरेन गोंयांतलें उण्यांत उणें तापमान 21 ते 22 अंश सेल्सियस मजगतीं आसतलें. गोंयांत कांय वाठारांनी फांतोडेर धुकें पडपाची शक्यताय आसा. हे मजगतीं, वातावरम सुके आसपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

Cricket – 60

आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 विश्वचषकांत काल रातीं कोलंबोच्या सिंहली स्पोर्ट्स क्लबांत जाल्ल्या खेळांत पाकिस्तानान अमेरिकेक 32 धांवड्यांनी हारयलो.

आयज सकाळीं 11:00 वरांचेर अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर दक्षिण आफ्रिका आनी अफगाणिस्ताना मजगती खेळ जातलो. मजगती, कोलंबोतल्या आर. प्रेमदासा स्टेडियमाचेर दनपरा तीनाक ऑस्ट्रेलिया आयर्लंदा आड खेळातली. सांजवेळा 7 वरांचेर मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमाचेर इंग्लंड आनी वेस्ट इंडीज हांचे मदीं खेळ जातलो.